# माननीय सभापतींचे समारोपाचे उलोवप

## ३-८-२०१८

भौमानेस्त सदस्य,

१. आता आमी ह्या अधिवेशनाच्या निमण्या पावण्याचेर आसात. आता ह्या अधिवेशनाचो समारोप जाता. हें अधिवेशन, १९ जुलय, २०१८, ह्या दिसा सुरू जाल्ले. एकूण १२ बैठको जाल्यो आनी तातून ८२ वरां आनी १५ मिं. च्या कालावधीन सभागृहान महत्वाचे कामकाज जाले.

२. ह्या अधिवेशनाच्या काळान, ७३४ तारांकित आनी १,१३४ अतारांकित अश्यो वट्ट एकूण १,८६८ प्रश्नांखातीर सुचोवण्यो आयल्यो. तातून ७३४ तारांकित प्रश्न स्वीकारले आनी ६० तारांकित प्रश्नांक तोंडी जाप दिली. उरील्ल्या ६६९ तारांकित आनी १,१३४ अतारांकित प्रश्नांच्यो जापो सभाघराच्या पटलाचेर दवरल्यो. ५ तारांकित आनी ४ अतारांकित प्रश्न फुडल्या अधिवेशनाखातीर फुडें धुकल्ले.

३. स्थगन प्रस्तावांखातीर आयिल्ले एक प्रस्तावाचे सुचना, स्थगन प्रस्तावांच्यां नियमांच्या कार्यकक्षन नाशिल्ल्यान ते प्रस्ताव न्हयकारलो. ह्या विषयाचेर सभाघरांत माननीय सभापतींन रूलींग दिले.

४. प्रस्नकाल हो सभागृहाचें कामकाजाचें एक अत्यंत महत्वाचो भाग आसा, आनी त्याखातीर आमी महत्वपूर्ण मुद्द्यांचेर सभागृहान अर्थपूर्ण चर्चा करची आनी सभागृह सुरूळीतपणे चलोवपाक आमचो प्रयत्न आसपाक जाय. आमी जनतेचे प्रतीनीधी आसा, आनी आमी तांका जबाबदार आसा. आमी संस्दीय नेम पाळून लोकशाही

आनी घटमुट करपाखातीर आमचो प्रयत्न आसचो. गोयच्या जनतेनं वेचून दिल्ले जापसालदार लोकप्रतिनिधी ह्या नात्यान आमचे सभाघरांतले वर्तल, शब्दांचे चयन आनी चर्चेचो दर्जो हाचेंर आमी लक्ष दिवपाची गरज आसा.

५. कामकाज सल्लागार समितीचो दुसरो अहवाल (२०१८) सभाघरा मुखार मांडलो आनी तो संमत केलो.

६. The Goa Requisition and Acquisition of Property Bill, 2017, ह्या, विधेयकाचेर चिकित्सा समितीचो अहवाल २०१८, सभागृहा मुखार मांडलो आनी तो संमत केलो.

७. ह्या अधिवेशनान, २० शोक निर्देशक सुचना, आनी ४ अभिनंदनांचे प्रस्ताव, सभागृहान एकमतान संमत केले. ह्या भायर, सरकाराकडल्यान आयिल्लीं १५० कागदपत्रां सभागृहा मुखार दवरली. ४ लक्षवेधी सुचना आनी २८ शुन्यकाळाचे उल्लेख, ह्या अधिवेशनान केले.

७. २०१८-२०१९ वर्साखातीरच्या ८९ अनुदान मागण्यो आनी तांच्या खातीर आयिल्ल्यो १२० कपात सुचोवण्यो सभागृहामुखार मांडल्यो. त्यो १० दिस चलील्या चर्चे उपरांत कपात सुचोवण्यो मतदानाक घालून त्यो सभागृहान न्हयकारल्यो आनी अनुदानित मागण्यो मतदानाक घालून संमत जाल्यो. ताच्या अनुषंगान गोंय विनियोग (क्र.२) विधेयक, २०१८, ह्या खातीरच्या अर्थसंकल्पा संदर्भातले विधेयक सभागृहान मांडून, विचारांत घेवन, सभागृहान संमत केले.

९. अनुदानित पुरवण्यो मागण्यो २०१८-२०१९ (पयलो गट) सभागृहामुखार मांडल्यो. तांचेर विचार विनिमय जावन, मतदानांक घालून, सभागृहान त्यो संमत केल्यो. ताच्या अनुषंगान गोंय विनियोग विधेयक, (क्र.३) २०१८, मांडून, विचारांत घेवन, मतदानांक घालून, सभाघरान विधेयक संमत केले.

१०. सभागृहान संमत केल्ल्या २ विधेयकांक माननीय राज्यपालांनी संमती दिल्ल्याचे सभाघराच्या निदर्शनाक हाडले. १२ सरकारी विधेयकां सभाघरा मुखार मांडून, विचारांत घेवन सभागृहान संमत केली.

११. माननीय सदस्यां कडल्यान १५ खाजगी प्रस्ताव आयले, तांतूल्यान ९ प्रस्तावांचेर चर्चा जावन, मतदानाक घालून, सदस्यांनी सरकाराकडल्यान योग्य आश्वासना उपरांत सभाघरांची अनुमती घेवन ते प्रस्ताव फाटी घेतले. आनी एक प्रस्ताव सभागृहांन एकमतान संमत केलो.

१२. २०१८-२०१९ वर्साखातीर वेगवेगळ्या समीतींचेर माननीय सदस्यांची नेमणूक जाली.

१३. हें अधिवेशन यशस्वी करपाखातीर सभागृहाचे माननीय नेते श्री.मनोहर पर्रीकर, माननीय विरोधी पक्ष नेते श्री. चंद्रकांत कवळेकर, आनी माननीय उप-सभापती श्री.मायकल लोबो, हांचो खूब मोठो मोलाचो वाटो आशिल्लो म्हणून हांव तांकां धन्यवाद दिता. सगळे माननीय मंत्री, विंगड-विंगड पक्षांचे नेते, बाकीचे सगळे मानेस्त आमदार, सहकारी हांचे सहकार्य खूब मोलाचे ठरले, हांव तांकां धन्यवाद दिता.

१४. विधिमंडळाचे सचिव श्री. निळकंठ सुभेदार, अन्य अधिकारी आनी विधानसभा सचिवालयाचे सगळे कर्मचारी हांचेंय हांव आभार मानता. मुख्य सचिव आनी विविध खात्यांचे सचिव आनी तांचे सहकारी हांकांय हांव तांच्या सहकार्याखातीर धन्यवाद दिता.

१५. सुरक्षा जाय त्या प्रमाणान दवरून जाणी आमची काळजी घेतली त्या पोलिस महासंचालक आनी तांच्या सगळ्या सहकाऱ्यांचो हांव आभारी आसा. आमच्या गोंयची सगळी खबरापत्रां आनी टी.वी चॅनला, दुरदर्शन, आकाशवाणी हांच्या प्रतिनिधिंनी आपलो वेळ खर्चून सगळ्या कामकाजाचे वृत्तांकन करून ते लोकांमेरेन पावयले, तांचोय हांगा विशेश उल्लेख करतां.

१६. आता आमी राष्ट्रगिता खातीर उबे रावूया.

१७. हांव आता सभागृह अनिश्चित काळाखातीर स्थगित करता.

*****